**पणजी म्हापालिका वेंचणूक**

**प्रचार मतदानाच्या 48 वरां पयली बंद**

ता. 5 मार्च 2026

पणजी म्हापालिकेच्या वेंचणूके खातीर मतदान मुक्त, सुरळीत आनी शांतीकायेच्या वातावरणात घेवपा खातीर वेंचणूक आयोगान वेंचणूक प्रचार मतदानाच्या 48 वरां पयली म्हणजे 9 मार्च दिसा सकाळी 8.00 वरा मेरेन बंद करपाचे निर्देश दिल्यात.

वेंचणूक प्रचाराचो काळ सोपले उपरांत भारतीय न्याय संहितेच्या कलम 189 च्या उपकलम (1) प्रमाण बेकायदेशीर जमांव करपाक, कसलीय मिरवणूक वा रॅली काडपाक, कायदो आनी सुवेवस्थेची समस्या निर्माण करपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, प्रचारा खातीर वाहनांचो वापर करपाक वा प्रचारा खातीर निर्वाचन अधिकाऱ्यान परवानगी दिल्ली वाहनां रस्त्यार चलोवपाक, खंयच्याय प्रकारात पैसे, देणगी, बक्षीस वा सोरो वाटपाक वाहनाचो वापर करपाक बंदी घातल्या. तशेंच खाजगी वाहनांचो गैरवापर टाळपा खातीर गरज पडल्यार वाहनांची तपासणी करपात येतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/159

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.